राश्ट्रीय खबरो, 22 ऑगस्ट 2026,

सांजेची 6.30 वरां.

अमित शहा 100

सिलीगुरीच्या सुकना हांगाच्या रिसॉर्टांत आयज घरमंत्री अमित शहा हांणी गोरखा फुडाऱ्यां कडेन म्हत्वाची बसका घेतली. मुखेल सचीव मनोज अग्रवाल, संवादक पंकज सिंग, आयबी संचालक महेश दीक्षित, हिल अफेयर्स राज्य मंत्री विशाल लामा, लोकसभा खासदार राजू बिष्ट, राज्यसभा खासदार हर्ष वर्धन श्रृंगला, गोरखा जनमुक्ति मोर्चा अध्यक्ष बिमल गुरुंग, आनी गोरखा राष्ट्रीय मुक्ती आघाडीचे अध्यक्ष मान घिसिंह तशेंच हेर पांच गोरखा आमदार आनी हेर कांय गोरखा फुडारीय हाजीर आशिल्ले.

पश्चिम बंगालाच्या दोंगराळ वाठारांतल्या समस्यांचेर कायमस्वरूपी तोडगो काडपा खातीर आदले आयपीएस अधिकारी पंकज सिंग हांच्या अध्यक्षतेखाला समिती स्थापन करपाची घोशणा घरमंत्री शहा हांणी केल्या. ही समिती केंद्र सरकाराक आपलो अहवाल सादर करतली.

ब्रिक्स 75

वेळार निर्णय दिवपी न्याय- वेवस्था संवसारीक विश्वास निर्माण करता, 'वेवसाय घटमुट करता आनी देशाक गुंतवणूक आनी अर्थिक उदरगतीक अदिक विश्वसनीय करता अशें मत भारताचे सरन्यायाधीश सूर्या कांत हांणी उक्तायलें.

नवी दिल्लींत आयोजित केल्ल्या इकराव्या ब्रिक्स कायदेशीर मंचाक संबोधित करतानां न्यायमूर्ती सूर्यकांत उलयताले. भक्कम संस्था – खास करून न्यायदान वेवस्था – ह्यो अर्थिक उदरगतीचें मुळावळ आसता.

त्यो कायद्याच्या राज्यांप्रती आशिल्या वचनबध्दते वरवीं विश्वास, पूर्वानुमान क्षमता आणि स्थिरताय प्रदान करता अशें तांणी सांगलें.

सरन्यायाधीश सूर्या कांत हांणी मुखार म्हळें.

लोक अदालत 90

“समाधान समारोह” उपक्रमाच्या आदारान जावपी तीन दिसांच्या खाशेल्या लोक अदालतीच्या पयल्याच दिसा सर्वोच्च न्यायालयान चारश्यां परस चड केशी निकालांत काडल्यो.

ह्या प्रकरणांत लग्नां संबंदीत आनी मालमत्तेचे वाद, मोटार अपघाताचे दावे, जमनी संपादन आनी भरपाय प्रकरणां, कर वाद, आनी उंचेल्या न्यायालयांत प्रलंबीत आशिल्लीं सेवा आनी कामगार प्रकरणां हांचो आस्पाव आसा.

संयशां परस चड प्रकरणांची वळेरी 16 खाशेल्या लोक अदालत खंडपिठा मुखार नोंद जाल्ली, दरेक खंडपिठांत दोन सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश आशिल्ले आनी तांकां वरिश्ठ वकील आनी हेरांचो आदार मेळ्ळो.

काल सुरू जाल्ली ही खासा लोक अदालत फाल्यां मेरेन चालू उरतली.

सोमालिया 85

२२ भारतीय खलाशी आशिल्ल्या आनी विदेशी झेंडो आशिल्ल्या दोन वेपारी जहाजांच्या अपहरणाचो मुद्दो भारतान सोमालियाच्या अधिकाऱ्यांकडेन उपस्थित केला.

यमन आनी सोमालियाच्या दर्यादेगे लागसार  घडिल्ल्या वेगवेगळया घडणुकांनीं  'एमटी सिबू' (MT Sibu) चेर १६ आनी 'एमव्ही लुतुफाचेर  (MV Lutuf)   ६ भारतीय खलाशांक घेवन वचरी   जहाजांचे सशस्त्र चाच्यांनी अपहरण केलां.

केनियांतल्या भारतीय उच्च आयुक्तालयान सोशल मीडियावरवीं केल्ल्या एका पोस्टांत सगळे भारतीय खलाशी सुरक्षीत आशिल्ल्याचें म्हळां.  भारता खातीर आपल्या खलाशी समुदायाची सुरक्षा आनी कल्याण अदीक महत्त्वाचे आशिल्ल्याचेंय तांणी नमूद केलां. तशेंच हे संदर्भांत सोमालियातल्या संबंधित अधिकाऱ्यांकडेन चर्चा केल्ल्याचेंय  उचेंल्या आयुक्तालयान सांगलां.

झारखंड 35

झारखंडांत व्हड उद्देगीक अपघात जाल्ल्याची खबर मेळळया. काल रातीं उसरां रामगढांतल्या सिमेंट आनी स्टिल पावर प्रकल्पांत टर्बायन स्फोट जावन व्हड प्रमाणांत उजो लागल्या उपरांत तीन अभियंत्यांक मरण आयलें आनी एकटो गंभीर जखमी जाल्ल्याची म्हायती मेळळया.

पावस 105

भारतीय हवामान विभागान  मध्य प्रदेशांत आयज उटंगरांनीं पावस पडपाची शिटकावणी दीत ऑरेंज अलर्ट जारी केला.

दिल्ली, हरयाणा, चंडीगढ, पंजाब, उदेंत उत्तर प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर आनी लडाखांत आयज व्हड पावसाची शक्यताय आशिल्ल्याचें हवामान विभागान म्हळां. तशेंच फुडल्या दोन ते तीन दिसांत बिहार, छत्तीसगढ, ओडिशा, उप हिमालयन, अस्तंत बंगाल,

उत्तराखंड आनी भारताच्या ईशान्य भागांतय अशीच हवामानाची स्थिती आसा.

मजगतीं, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी उदेंत राजस्थानांत फाल्यां मेरेन जोगलां , वारें आनी  गडगडा सयत पावसाची शक्यताय आसा.

खेळ 40

बी.डब्ल्यू.एफ बॅडमिंटन संवसारीक चॅम्पियनशिप सर्तींत आयज सेमीफायनलींत भारताची महिला दुहेरी जोडी ट्रीसा जॉली आनी गायत्री गोपीचंद मुखेल आकर्शण आसतलीं.

नवी दिल्लीच्या इंदिरा गांधी इंडोर स्टेडियमांत भारतीय जोडयेक चीनाच्या पयल्या क्रमांकाच्या लियू शेंग शु आनी तान निंग हांचे मदीं खेळ जातलो.